# सहकारातल्यान अर्थिक उदरगतीक नेट

प्रकाश एस. नाईक

म्हायती अधिकारी

देशाच्या हेर वाठारांच्या तुलनेत गोंयांत सहकार चळवळ थोड्या प्रमाणात उसरा सुरू जाल्लीआसली तरी आता मेरेन नोंदणी जाल्ल्या सहकारी संस्थांचो आकडो पळयलो जाल्यार सहकार मळार बरीच उदरगत जाल्ली आमका पळोवक मेळटा. राज्यांत घर निर्माण संस्थां, महिला आप मजत गट संस्थां, पत पुरवण संस्थां, नागरी सहकारी बँको, दुद सहकारी संस्थां आनी हेर अशां संस्थांचो आकडो बरोच व्हड आसून अशां संस्थांकडल्यान अर्थपुरवण आनी समाजाक सेवा दिवपाचो वावर जाता.

सहकार संस्थां कायदो 1904 च्या अंमलबाजावणी उपरांत देशांत खऱ्या अर्थान सहकार चळवळ सुरू जाली. उपरांत ह्या कायद्याच्या जाग्यार सहकार कायदो 1912 ची अंमलबजाणी सुरू जाली. 1919 वर्सा सहकार कायद्यात जाल्ल्या घटनात्मक सुदारणे उपरांत हो कायदो राज्यांनी लागू जालो आनी त्या प्रमाण विंगड विंगड राज्यांनी आपलो स्वताचो सहकारी कायदो तयार करून ताची अंमलबजावणी केली. महाराष्ट्र सहकारी कायदो 1925 ची सगळ्यांत पयली अंमलबजावणी सुरू जाली.

गोंय 19 डिसेंबर 1961 वर्सा परकीय राजवटीतल्यान मुक्त जाले आनी मुक्ती उपरांत रोखडीच राज्यांत सहकार चळवळ सुरू जाली. मार्च 1963 वर्सा नगरगांव ह्या ग्रामीण वाठारात नगरगांव व्ही. के. एस. एस. नावान पयली कृशी सहकारी संस्था सुरू जाली. त्या उपरांत गोंय, दमण आनी दीव संघप्रदेश वाठारांत सहकारी संस्थांची स्थापना सुरू जाली. गोंयांत कृशी उत्पादन वाडोवपाक कृशी सहकारी संस्थांचे म्हत्वाचे योगदान आसून ताचो फायदो राष्ट्रीय अर्थवेवस्थेकय जालो.

1979 वर्सा सावन सहकार क्षेत्राच्या मळार जाल्लो विस्तार आनी ह्या मळार उपलब्ध जाल्ल्या विंगड विंगड संदींक लागून गोंय राज्यांत वेगवेगळ्या उद्देशान सहकारी संस्थां सुरू जाल्यो. तातूंत गिरायक सहकारी संस्थां, उद्देगीक, मार्केटिंग संस्थां, पशुपालन संस्थां, कर्मचारी संस्थांचो आस्पाव आसा. 1980 दशकाच्या काळांत गोंय राज्यांत सहकार मळार व्हड बदल जालो. 1980-1990 च्या दशकात राज्यांत दुद वेवसायांत व्हड उदरगत जाली आनी अनेक दुद उत्पादक सहकारी संस्थांची स्थापना जाली. सद्या गोंयांत 179 दुद उत्पादक सहकारी संस्थां आसून ह्या संस्थामार्फत गोंयच्या जनतेक दुद पुरवण जाता.

तशेंच गोंयांत सद्या 127 अर्बन सहकारी पतपुरवण संस्थां आनी 264 कर्मचारी सहकारी पतपुरवण संस्थां आसात. गोंय राज्यांत 31 मार्च 2022 मेरेन वट्ट 5271 सहकारी संस्थांची नोंदणी जाल्ली आसा.

राज्यांत ग्रामीण अर्थ वेवस्था मजबूत करपाक सहकार क्षेत्राचे मोठे योगदान आसा. राज्यांत सहकार चळवळीची उदरगत जावची तशेंच सहकार संस्थांच्या वांगड्यांचीय सामाजीक अर्थिक उदरगत जावचे खातीर राज्य सरकार वेगवेगळ्या येवजणांची अंमलबजावणी करून सहकार क्षेत्राक मदत करता.

सहकार क्षेत्रात काम करपी सहकारी संस्थांचे वांगडी आनी कर्मचाऱ्यांच्या हिताखातीर सहकार खाते साबार प्रयत्न करता.

शिरोडा मतदारसंघाचे प्रतिनिधीत्व करपी आमदार श्री. सुभाष शिरोडकर हांणी सहकार मंत्री म्हूण ताबो घेत सावन गोंय राज्यांत सहकार चळवळ मजबूत करपाक प्रयत्न सुरू केल्यात. सहकारी संस्थांक सक्षम करून तांची येणावळ वाडोवपाखातीर गोंय सहकार समृध्दी येवजण चालीक लावपाचो प्रस्ताव आसून ही येवजण 1 एप्रिल 2023 सावन लागू जातली.

गोंय राज्यांत सहकार खात्यावतीन 14 ते 20 नोव्हेंबर 2022 मेरेन सहकार सप्तक मनोवपात येतलो. 69 व्या अखिल भारत सहकार सप्तकाक 14 नोव्हेंबराच्यान सुरूवात जाता आनी 20 नोव्हेंबराक सप्तकाची सांगता जातली. "India@75: सहकार क्षेत्राची वाड आनी भवितव्य सामकार" अशी ह्या वर्साच्या सहकार सप्तकाची संकल्पाना आसा. सहकार सप्तकानिमतान खात्यान राज्यांत साबार कडेन सहकार संस्थांच्या सहकार्यान कार्यक्रमांचे आयोजन केला. ता. 14 नोव्हेंबर 2022 दिसा सकाळी 10.00 वरांचेर गणेशोत्सव मंडळ सभाघर, शिरोडा बाजार शिरोडा हांगा मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं सहकार सप्तकाचे सहकार मंत्री श्री. सुभाष शिरोडकर हांच्या उपस्थितीत उक्तावण जातले.

गोंय राज्यांत सहकार चळवळ मजबूत करपा खातीर राज्य सरकार आनी सहकारी संस्थांच्या वेवस्थांपनाकडल्यान जावपी वावर पळयलो जाल्यार राज्यांत सहकार चळवळीक नक्कीच नवी उभारी येतली आनी ताचो फायदो राज्यांतल्या बेकारीचो प्रस्न सोडोवपाक मदत जातली.

*****************************************************

-

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji